1st June 2025 सकाळी - 8.40

नमस्कार, आकाशवाणी पणजी केंद्रांच्या प्रादेशिक खबरा विभागवरवीं, मनाली प्रभुगावकर तुमका ह्यो राष्ट्रीय खबरो दिता.

मुखेल खबरो

- नागालँडांत, राष्ट्रवादी काँग्रेस पक्षाचे सगळे सात आमदार, सत्ताधारी नॅशनलिस्ट डेमोक्रेटिक प्रोग्रेसिव्ह पक्षांत, सामील जाल्यात.

- सशस्त्र दळांच्या आधुनिकीकरणाक गती दिवपा खातीर, संरक्षण मंत्रालयान शस्त्रां खरेदी चक्र उणें करपाक, जायते उपाय सुरू केल्यात.

- राष्ट्रीय तपास यंत्रणेन पाकिस्तानाखातीर गुप्तचर प्रकरणांत, आठ राज्यांतल्या 15 सुवातींनी सोद कारवाय केल्या.

- मिस थायलंड ओपल सुचाता चुआंग-श्री, हिणे मिस वर्ल्ड 2025चो ताज मेळयलो.

- आयपीएल क्रिकेटीच्या दुसऱ्या क्वालिफायरांत, मुंबय इंडियन्स आनी पंजाब किंग्स ह्या पंगडा मदीं, आयज खेळ जातलो.

नागालँड -

नागालँडांतल्या एका व्हड राजकीय घडणुकेंत, राष्ट्रवादी काँग्रेस पक्षाचे सात आमदार सत्ताधारी नॅशनलिस्ट डेमोक्रेटिक प्रोग्रेसिव्ह पक्षांत सामील जाल्ल्यान, 60 वांगड्यांच्या राज्य विधानसभेंत NDPPची तांक 32 जाल्या. संसदीय वेव्हार मंत्री आनी NDPPचे वरिश्ठ फुडारी केजी केन्ये हांणी काल सांजे प्रसार माध्यमांक सांगलें, की NCPच्या आमदारांनी विलीनीकरणाचो अर्ज, विधानसभा सभापती कडेन सादर केला आनी तांणी तो औपचारीकपणान मान्य केला. हे कृतीक लागून मुख्यमंत्री नेइफ्यू रिओचें फुडारपण घटमूट जाता आनी थळाव्या प्रस्नांक तोंड दिवपाक, चड बरी स्थिती जाता, अशें केन्ये हांणी सांगलें. NCPच्या राष्ट्रीय

रचनेंतल्या अडचणींचो उल्लेख, तांणी ह्या निर्णया फाटलो मुखेल घटक आसा, म्हूण केला.

संरक्षण मंत्रालय -

सशस्त्र दळांच्या आधुनिकीकरणाक गती दिवपा खातीर, संरक्षण मंत्रालयान शस्त्रां खरेदी चक्र उणें करपाक, जायते उपाय सुरू केल्यात. संरक्षण सचीव राजेश कुमार सिंग हांणी सांगलें, कि हे कृती वरवीं सुमार 69 सप्तकां वाचतली आनी सध्याच्या गरजे प्रमाण 2020 वर्साच्या, खरेदी नेमांत सुदारणा जातली. नवी दिल्लींत संरक्षण परिशदेंत संबोधीत करतना तांणी सांगलें, कि खरेदी चक्रांतल्या कांय प्रक्रियांखातीर लागपी वेळ, मंत्रालयान कमी केला. जहाज बांदपा खातीर आनी प्रगत मध्यम झुजारी विमान प्रकल्पा खातीर, ही नवी पद्दत पयलींच चालीक लायल्या, अशेंय तांणी सांगलें. संरक्षण मंत्रालयान 2025 हें सुदारणांचें वर्स म्हण जाहीर केलां. नव्या आव्हानांक तोंड दिवपाक सक्षम अशा, लश्करी तंत्रज्ञानान प्रगत आनी झुजाक तयार सैन्य करपाचो, हाचो हेत आसा.

एनआयए सोद -

राष्ट्रीय तपास यंत्रणेन पाकिस्तानाखातीर गुप्तचर प्रकरणांत, आठ राज्यांतल्या 15 सुवातींनी सोद कारवाय केल्या. दिल्ली, मुंबय, हरियाणा, उत्तर प्रदेश, राजस्थान, छत्तीसगढ़, आसाम आनी अस्तंत बंगालांतल्या पाकिस्तान इंटेलिजन्स ऑपरेटिव्हस कडेन, संबंदीत आशिल्ल्या दुबावितांच्या आवारांत सोद कारवाय केल्ल्याचें, NIAन निवेदनांत म्हणलां. ह्या कारवायेंत जायते इलॅक्ट्रॉनीक उपकरणा आनी संवेदनशील अर्थीक कागदपत्रां सयत, हेर गुन्यांवकारी साहित्य जप्त केला. NIAच्या चवकशे प्रमाण, दुबावितांचो पाकिस्तानी कार्यकर्त्यां कडेन संबंद आशिल्लो, आनी भारतांत गुप्तचर कार्यावळीखातीर ते काम करताले.

**पीएम ३ बाईट -**

**ऑपरेशन सिंदूर हे भारताच्या बायलां सत्तेचें प्रतीक जालां, अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. भोपाळांतल्या जंबूरी मैदानांत, लोकमाता देवी अहिल्या बाई हांच्या 300व्या जयंती दिसा आयोजीत केल्ल्या, महासम्मेलनांक प्रधानमंत्री मोदी संबोधित करताले. ऑपरेशन सिंदूर हे भारताच्या शौर्याचें प्रतीक जालां. पहलगामातलो दहशतवादी हल्लो हो, भारताच्या बायला शक्तीक आव्हान आशिल्ले आणि तो गुनयावकारांक मृत्युदंड थारलो, अशेंय तांणी सांगलें.**

**Byte - पहलगाम वुमन**

**भोपाळांत भौशीक रॅलीक संबोधीत करतना तांणी सांगलें, कि भारत खंयच्याच प्रकारच्या लिपून केल्ल्या झुजाक खपोवन घेवचो ना आनी अशा आतंकवादी कृत्यांक खर प्रतिसाद दिवपाचो भारताचो निर्धार आसा. प्रधानमंत्र्यांनी मुखार म्हणले, की ऑपरेशन सिंदूर हे भारताच्या शौर्याचे प्रतीक जाला. आतंकवाद्यांनी बायलांच्या सत्तेक आव्हान दिल्लें. हे आव्हान तांका घातक ठरले. आमच्या सैन्यान शेकडो किलोमीटर अंतरार आशिल्या, शत्रूच्या घरात घुसून तांचे दहशतवादी अड्डे उद्ध्वस्त केले. ऑपरेशन सिंदूर ही भारताच्या इतिहासातली, आतापर्यंतची सगळ्यात व्हड यशस्वी कारवाई आसा, अशे मोदी हाणी म्हणले.**

**Byte - पाक प्रॉक्सी वोर**

**मध्य प्रदेशाची राजधानी भोपाळांतल्या जंबूरी मैदानांत लोकमाता देवी अहिल्याबाई हांच्या 300व्या जयंतीच्या निमतान आयोजीत केल्ल्या, बायलां**

सशक्तीकरण परिशदेक प्रधानमंत्री उलयताले. देवी अहिल्याबाई हांचे कार्य प्रशासनाविशी ते उलयलें.

AMIT SHAH-WB VISIT - 30

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह अस्तंत बंगालाच्या दोन दिसांच्या भोंवडेर काल रातीं कोलकातात पावले. तांकां विमानतळार भाजपा फुडारी सुवेन्दु अधिकारी हाणी हेर पक्ष फुडाऱ्यां वांगडा येवकार दिलो. शाह आयज बसकेंत भाजपाच्या कार्यकर्त्यांक संबोधीत करतले.

मिस वर्ल्ड -

हैदराबादांत काल रातीं जाल्ल्या, मिस वर्ल्ड सर्तीच्या 72व्या आवृत्तींत, मिस थायलंड ओपल सुचाता चुआंग-श्री, हिका मिस वर्ल्ड 2025 म्हणून ताज प्रदान केलो. इथिओपियाची हॅसेट डेरेजे अदमासू पयली उपविजेती आनी पोलंडची माजा क्लाजदा हांका दुसरी उपविजेती म्हण जाहीर केली.

शिवराज सिंग चौहान -

'विकसीत कृशी संकल्प अभियान' ही मोहीम फकत सरकारी येवजण न्हय तर शेतकारांक मोलादीक म्हायती दिवपी भौशीक चळवळ आसा, अशें केंद्रीय कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलां. वेगवेगळ्या राज्यांतल्या आमदारांकडेन ऑनलाईन संवाद सादतना, मंत्री चौहान हांणी सांगले, कि हे मोहिमे खाला शेतकारांकडेन मुखेल विशयांचेर चर्चा जातली, आनी तांच्या प्रस्नांक संबंदीत तज्ञ, योग्य रितीन सोडयतले. चौहान हांणी नदरेक हाडले, की

‘एक राष्ट्र, एक शेती, एक पंगड’ हो मुखेल मंत्र आसा, जो भागधारकांक एकठांय हाडटलो आनी भारताक ‘विकसीत भारत - 2047’ कडेन मुखार व्हरतलो.

**जन औषधी -**

तरणाटे वेव्हार आनी खेळां मंत्रालय, वखदां खात्याच्या सहकार्यान आयज जन औषधी केंद्र, अणभवात्मक शिक्षण कार्यावळ सुरू करतले. ह्या 15 दिसांच्या कार्यावळी खाला, देशभरांतल्या दरेका जिल्हयांतल्या पांच जनऔषधी केंद्रांनी, पांच तरणाटे स्वयंसेवकांची नेमणूक करतले. स्वयंसेवक दिसपट्ट्या कार्यावळींनी मदत करप, वखदां वेवस्थापनाक आदार दिवप आनी जेनेरिक वखदां तशेच भौशीक भलायकी साक्षरताये विशीं जागृताय वाडोवप, हांचेर भर दीतले. जन औषधी केंद्रां भितर तरणाटे स्वयंसेवकांक आस्पावित करून, ही कार्यावळ सेवा, शिस्त आनी समाजप्रधान वेवसायाची मुल्यां रुजयतली.

**रशिया रेल्वे अपघात -**

रशियेंत काल अस्तंत ब्रायनस्क वाठारांत, पूल कोसळ्ळया उपरांत, प्रवासी रेल्वे गाडी पटरीवयल्यान देंविल्ल्यान, उण्यांत उणे सात जाणांक मरण आयलें आनी 30 जाण जखमी जाले. मॉस्कोसावन, क्लिमोव्ह मेरेन वचपी ही गाडी, व्हायगो-निचस्की जिल्हयांत ट्रेकवेल्यान देंवली. “येरादारी कार्यावळींत बेकायदेशीर हस्तक्षेपाक लागून” हो अपघात जालो, अशें अधिकाऱ्यांनी सांगलें, पूण फुडलो तपशील दिवंक ना. रशियन सरकारी खबरां एजन्सीन म्हळां, कि मरण आयिल्ल्यामदीं गाडयेच्या ड्रायव्हराचो आस्पाव आसा.

IPL – 60

आयपीएल क्रिकेट सर्तींत आज अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमाचेर जावपा आशिल्ल्या दुसऱ्या क्वालिफायरांत मुंबय इंडियन्स आनी पंजाब किंग्स ह्या पंगडा मदीं खेळ जातलो. ही मॅच सांजवेळा 7:30 वरांचेर सुरू जातली. ह्या खेळांत जैतिवंत जावपी पंगड मंगळारा त्याच सुवातेर आयपीएल फायनलींत रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू पंगडा आड खेळटलो. मुंबय इंडियन्सान आतां मेरेन पांच खिताब जिखल्यात जाल्यार पंजाबान एक फावट लेगीत खिताब जिखूंक ना.

आयएमडी हवामान - 80

भारतीय हवामान खात्यान आयज आसाम, मेघालय, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम आनी त्रिपुरा हांगाच्या एकसुरे सुवातानी, पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड, पंजाब, हरियाणा आनी चंडीग हांचे वांगडा दिल्ली शारांत, 4 जून मेरेन गडगड आनी वारें मारून, काय प्रमाणात पावस पडूं येता. आयज विदर्भ, छत्तीसगड, झारखंड, ओडिशा, मध्य प्रदेश, बिहार ह्या सुवातांनी गडगड, जगला आनी वादळी वार्यासयत मध्यम प्रमाणात पावस पडपाचो, अदमास उक्तायला. तशेच केरळ, माहे, कर्नाटक आनी आंध्र प्रदेशातुय गडगड, आनी वादळी वारे व्हावपाची शक्यताय आसा, अशें आयएमडीन सांगलां.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- नागालँडांत, राष्ट्रवादी काँग्रेस पक्षाचे सगळे सात आमदार, सत्ताधारी नॅशनलिस्ट डेमोक्रेटिक प्रोग्रेसिव्ह पक्षांत, सामील जाल्यात.

- सशस्त्र दळांच्या आधुनिकीकरणाक गती दिवपा खातीर, संरक्षण मंत्रालयान शस्त्रां खरेदी चक्र उणें करपाक, जायते उपाय सुरू केल्यात.

- राष्ट्रीय तपास यंत्रणेन पाकिस्तानाखातीर गुप्तचर प्रकरणांत, आठ राज्यांतल्या 15 सुवातींनी सोद कारवाय केल्या.

**- मिस थायलंड ओपल सुचाता चुआंग-श्री, हिणे मिस वर्ल्ड 2025चो ताज मेळयलो.**

**- आयपीएल क्रिकेटीच्या दुसऱ्या क्वालिफायरांत, मुंबय इंडियन्स आनी पंजाब किंग्स ह्या पंगडा मदीं, आयज खेळ जातलो.**

**इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो, आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें, आयज सांजे साडे स वरांचेर. नमस्कार**